# दिव्यांग व्यक्तींक आर्थिक मदत दिवपाच्या येवजणेत सुदारणा

ता. 30 ऑक्टोबर 2018
8 कार्तिक 1940

केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयाच्या दिव्यांग व्यक्ती सशक्तीकरण विभागावतीन पात्र दिव्यांग व्यक्ती, दिव्यांग व्यक्तींखातीर कार्य करपी बिगर सरकारी संस्था आनी राज्य सरकारी संस्थांक आर्थिक मदत दिवपाच्या येवजणेत सुदारणा करून नवीन मार्गदर्शिका तयार केल्या. नवीन मार्गदर्शिकिप्रमाण दिव्यांग व्यक्तींनी तयार केल्ली पेंटिंग्स, हस्तकले सयत हेर उत्पादनांचे प्रदर्शन/ कार्यशाळांचे आयोजन, राज्य पावंडयाचेर आनी खास करून राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पावंडयाचेर खेळ वा फाईन आर्ट, संगीत, नाच प्रकारांत प्राविण्य मेळयिल्ल्या पात्र दिव्यांग व्यक्तीक मदत करपाखातीर हया येवजणेच्या राष्ट्रीय निधीतल्यान मदत दितले. राज्य सरकारान केल्ल्या शिफारसीचो परीक्षण मंडळान अभ्यास केले उपरांत दिव्यांग व्यक्तींच्यो गरजो पूर्ण करपाक एका खेळ वा कला प्रकाराखातीर एकदाच मदत दितले.

हया येवजणेचो लाव घेवपाखातीर खंयचीय सरकारी संस्था वा हेर संस्था, संस्था वा कंपनी वा विश्वस्त कायद्याखाला कमीत कमी तीन वर्सा पयली नोंद जाल्ली आसपाक जाय आनी उत्पादनां, पेंटिंग्स आनी हेर उत्पादनांचे प्रदर्शन/कार्यशाळा आयोजित करपाचो दोन वर्साचो अणभव आसपाक जाय.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2018/1617